20.06.2026 आकाशवाणी पणजी 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

- केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री L. Murgan हांच्या अध्यक्षतायेखाला भाजपा राज्य कार्यकिरीणीची बसका आयज पणजेत जाली.
- फाल्या संसारीक योग दीसाच्या फांटभुयेर राज्यातल्या 12 म्हालांनी योग दीसाची कार्यावळ जातली अशी म्हायती गोंयचे खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या.
- फाल्या जावपी 'री-नीट' परीक्षे खातीर गोंय सरकार पुराय तरेन सज्ज जालां. कदंबा वाहतूक महामंडळान वेगवेगळया परीक्षा केंद्रांचेर री नीट परीक्षा दिवपी विध्यांर्थ्यांखातीर कदंबा बस सेवेची व्यवस्था केल्या.

केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री L. Murgan हांच्या अध्यक्षतायेखाला भाजपा राज्य कार्यकिरीणीची बसका आयज पणजेत जाली. ह्यावेळार गोंय भाजपाच्या उदरगतीच्या कामाचो नियाळ मंत्री मुरगन हांणी घेतलो. केंद्र सरकाराच्यो येवजण्यो नागरीकांमुखार पावयात, 40 सुय मतदार संघात भाजपाचे संघटन घटमुट करात, तशेंच 2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेत भौवमतान भाजपाचे सरकार वेचून हाडपाक तळागळातल्यान काम करात अशे मंत्री एल मुरगन हांणी भाजपाच्या कार्यकर्त्यांकडे मागले. भाजपा सगल्या 40 मतदारसंघांनी आपली संघटना घटमूट करपाक लागल्या. आमी सगल्या 40 मतदारसंघांनी लढो दितले. युतीचो निर्णय उच्च कमांड योग्य वेळार घेतले. सुमार 10 मतदारसंघ आसात जंय आमची संघटना आनीक घटमूट करपाची गरज आसा, आनी तें जातलें. 2027 वर्सा 30 सुवातो जिखपाचो आमकां विस्वास आसा अशे गोंय भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक हांणी सांगले.
ह्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. ह्यावेळार अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, पक्षाचे फुडारी सिद्धार्थ कुंकळकार, सर्वानंद भगत, तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत खासदार श्रीपाद नायक, सदानंद शेट तानावडे तशेंच हेर मानेस्तांची उलोवपा जाली. उत्तर आनी दक्षीण गोंयासयत कुशावती जिल्ह्यात भाजप संघटन घटमुट करप हाचेर भर दीवपाचो निर्णय हेवेळार जाला.गेल्या वेळार मतदिरसंघ फेररचणुक केल्ल्यान दक्षिणेतल्या कांय मतदारसंघानी

निवडुन येवपाक धपको बशील्लो.मात 2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेत हे मतदारसंघ जिखपाक पुराय नेटान भाजप संघटन काम करतले अशे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला.

फाल्या संसारीक योग दीसाच्या फांटभुयेर राज्यातल्या 12 म्हालांनी योग दीसाची कार्यावळ जातली अशी म्हायती गोंयचे खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या. Fit inda सयत Fit Goa करपाची मोख दवरतना अंदु 2 लाख परस चड नागरीक योग दीसाच्या कार्यावळीत वाटो घेतले अशे मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला. फाल्या श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेर सकाळी 5:30 वराचेर योग दीसाची मुखेल कार्यावळ जातली. हेवेळार व्हिडीयो कान्फरेन्सिगांच्या माध्यमातल्यान प्रधानमंत्री योग दीसाचो संदेश योग दीसाच्या कार्यावळीत वाटो घेतील्ल्याक दीतले अशी म्हायती मंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या. BYTE
फाल्यां आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचे फाटभुयेर सरकारी तशेंच अनुदानित शाळांतल्या सगळया विद्यार्थ्यांनी, शिक्षकांनी तशेंच शिक्षकेतर कर्मचाऱ्यांनी योग दिसाच्या कार्यावळीत व्हडा संखेन वांटो घेवचो अशे राज्य शिक्षण संचालनालयान आवाहन केला. या वर्साचो आंतरराष्ट्रीय योग दीस आयतारा आशिल्ल्यान जांका शाळेत वचून ही कार्यावळीत सहभागी जावप शक्य ना तांणी, आपल्या घरा लागीं आशिल्ल्या खंयच्याय सोयीच्या सुवातेर वचून या कार्यक्रमांत वांटो घेवचो अशे ह्या परीपत्रकात म्हळा. देश पांवड्यावेली मुखेल योग कार्यावळ सकाळीं ६:०० वरांचेर सुरू जातली आनी मागीर सकाळीं ६:३० वरांचेर प्रधानमंत्र्यांचें देशवासीयांक उद्देशून उलोवप करतले. जे कर्मचारी वा शिक्षक आपल्या शाळेभायर या कार्यावळीत वांटो घेतले तांणी थंयच्या आयोजका कडल्यान उपस्थिती वा वांटेकार प्रमाणपत्र घेवप गरजेचे आसा. हें प्रमाणपत्र सोमवार, २२ जून २०२६ दिसा आपल्या शाळा प्रमुखाकडे जमा करचें पडतलें अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केला.

भलायकी, निरोगीपण, आनी समग्र जिणेच्या राज्यव्यापी उत्सवांत, आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2026 गोंयच्या सगल्या 12 तालुक्यांनी 21 जून 2026 दिसा मनयतले. सगल्या थरांतल्या नागरिकांक योग कार्यावळींनी वांटो घेवपाक आनी योगाच्या अभ्यासा वरवीं भलायकेन भरिल्ली जिणे पद्दत आपणावंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा. खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, आयुष मंत्रालय, गोंय खेळां प्राधिकरण, शिक्षण संचालनालय, आनी राष्ट्रीय आयुष मिशन–राज्य आयुष सोसायटी गोंय हांच्या जोड पालवान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

राज्यातल्या सगळया तालुक्यांतल्या थारायिल्ल्या सुवातींनी एकाच वेळार योग सत्रां जातलीं. ह्या कार्यावळींत योग वेवसायीक, विद्यार्थी, खेळगडे, अधिकारी, आनी नागरिक व्हडा संखेन हाजीर रावतले. भलायकेन भरिल्लो आनी चड सक्रीय समाज उबारपाच्या दृश्टीकोनाकडेन जुळोवन, एकंदर निरोगीपण वाडोवपाचें आनी कुडी आनी मन हांचे मदीं समरसताय वाडोवपाचें साधन म्हणून योगाचो दिसपट्ट्या जिणेंत आस्पाव करपाचें म्हत्व उक्तें केलां. राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हाजीर आसतले. तशेच केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक; खेळ आनी युवा वेव्हार मंत्री डॉ. रमेश तवडकर गोंय सरकाराचे मुखेल सचीव आयएएस डॉ व्ही. कान्दवेलू, संतोष सुखदेवे, आयएएस, सचीव (खेळ); आनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालक आनी गोंय खेळां प्राधिकरणाचे कार्यकारी संचालक डॉ. अजय गावडे हाजीर रावतले.

डॉ. पद्म गुरमेट हे भारताच्या आयुष मंत्रालयांतर्गत आशिल्या 'नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ सोवा-रिग्पा'चे संस्थापक संचालक आसात. डॉ. गुरमेट यांनी सोवा-रिग्पा पद्धतीक आयुष मंत्रालयाच्या कक्षेत हाडुन एका संशोधन संस्थेची शून्यातून उभारणी करपाक आणि हिमालयातल्या या उपचार पद्धती खातीर भारताच्या वतीन युनेस्कोकडे नामांकन सादर करपाच्या प्रक्रियेचे फुडारपण करपाक महत्त्वाची भूमिका साकारला. हे पारंपारीक परवद पद्धतीचो .साबाळ करपाच्या वावराक लागुन तांका हे वर्साचो भारताचो सर्वोच्य नागरी भौमान पदमश्री फाव जाला.

फाल्या जावपी 'री-नीट' परीक्षे खातीर गोंय सरकार पुराय तरेन सज्ज जालां. दक्षिण गोंयचे जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी परीक्षेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. परीक्षेच्या दिसा कसलीच आडखळ येवची न्हय आनी उमेदवारांक कसलोच त्रास जावचो न्हय, हे खातीर जिल्हा प्रशासनान जायतीं पावलां उखलल्यांत. कदंबा वाहतूक महामंडळान वेगवेगळया परीक्षा केंद्रांचेर री नीट परीक्षा दिवपी विध्यांर्थ्यांखातीर कदंबा बस सेवेची व्यवस्था केल्या. विध्यांर्थ्यांक वेळेर पावपाक मदत जावची म्हण ही बस सेवा सकाळी ९.३० वरा सावन सुरु जातली

कदंब येरादारी म्हामंडळान दिव्यांग व्यक्तींखातीर आपली फुकट प्रवास येवजण आतां आंतरराज्य बस सेवांखातीरय लागू केल्या. पयलीं ही सवलत फकत गोंया भितर चलपी बसी पुरतीच मर्यादीत आशिल्ली, पूण ही नवी सुविधा १ जुना सावन अमलांत आयल्या. ह्या निर्णयाक लागून गोंयाभायर उपचार, शिक्षण आनी खाजगी कामां खातीर वचपी दिव्यांग व्यक्तींक व्हड प्रमाणांत लाव जातलो. ह्या येवजणे अंतर्गत खंयच्याय दिव्यांग व्यक्तीकडेन सरकारी दिव्यांग प्रमाणपत्र वा वळखपत्र आसप गरजेचे आसा. केंद्र सरकारच्या कायद्याप्रमाण म्हामंडळ हेर राज्यांतल्या प्रवाशांचीं अपंगत्व प्रमाणपत्रांय मान्य करतलें, देखून गोंयाभायर पावतल्या बिगर-गोंयकार प्रवाशांकय हो लाव मेळटलो. सरकारी यंत्रणेन दिल्लें खंयचेंय वैध दिव्यांग प्रमाणपत्र मानून घेतलें आनी हेर खंयच्याय राज्यांतलो प्रवासी जर आमच्या बशीन प्रवास करता आनी ताचेकडेन योग्य कार्ड आसा, जाल्यार ताका ही सवलत मेळटली. ह्या येवजणेखातीर दर एका आंतरराज्य केटीसी बशींत दोन सीट्स राखून दवरतले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज आपलो ६८ वा वाढदिस मनोवपाक ओडिशातल्या मयूरभंज जिल्ह्यात आपल्या 'पहाडपूर' या गावाक पावली. थंय थळाव्यांनी तांका उमेदीन येवकार दिलो. राष्ट्रपतींचे आगमन जाले उपरांत ओडिशाचे राज्यपाल हरि बाबू कंभमपती आणि मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी हांणीय तांका येवकारले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीय पहाडपूर पावल्यात. राष्ट्रपती आणि ते एकठांय या गावाक भेट दिली आणि 'संथाली जाहेरा' आनी 'हो जाहेरा' या पवित्र उपवनांत प्रार्थना केली. उपरांत ओडिशा सरकारच्या कार्यकाळाक दोन वर्सां पुराय जाल्यानिमित्त रायरंगपूरात आयोजित एका व्हड भौशिक कार्यक्रमात राष्ट्रपती आणि प्रधानमंत्री वांटो घेतलो . प्रधानमंत्र्यांनी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मुक वाढदिसाची परबी दिली’.